**राज्यपालांची मडगांव, असोळणा, बाणावली, वार्का आनी फातोर्डा वाठारांक भेट**

ता. 18 जून 2025

राज्यपाल श्री पी एस श्रीधरन पिल्लई हांणी तांच्या "खुशाल कल्याण यात्रेच्या" चौथ्या फेरयेंत आयज दक्षीण गोंयांतल्या साश्ट तालुक्यातल्या मडगांव, असोळणा, बाणावली, वार्का आनी फातोर्डा वाठारांत भेट दिली. गोंयच्यो प्रथम महिला श्रीमती. रीता श्रीधरन पिल्लई हांचीय राज्यपाला वांगडा उपस्थिती आशिल्ली.

2021 वर्सा गोंयच्या राज्यपाल पदाचो पदभार सांबाळीत सावन राज्यपाल श्री श्रीधरन पिल्लई हांणी राज्यांतल्या लोकांमेरन पावन तांचे कडेन संवाद सादपा खातीर गोंयच्या वाठारांनी 'गोंय ग्राम संपूर्ण यात्रा', 'सैमिक दायज यात्रा', 'द्वीप परिचय यात्रा' 'गोवा गिरियारोहण यात्रा' ह्या सारख्यो यात्रा केल्यो.

"खुशाल कल्याण यात्रेत " राज्यपाल गोंयच्या धार्मिक थळांक भेट दिवन गोंय आनी देशांत शांतीकाय, खुशालकाय आनी लोककल्याणा खातीर साठी देवदेवतांचो आशीर्वाद मागतात.

आयज राज्यपालान मडगांवच्या लोहिया मैदानाक भेट दिवन यात्रेची सुरवात केली. खासदार कॅप्टन विरियातो फर्नांडिस; विरोधी पक्षनेते श्री युरी आलेमांव , आमदार श्री दिगंबर कामत हांणी लोहिया मैदानाचे राज्यपालांक येवकार दिलो. राज्यपालान स्मारकाचेर पुष्पचक्र अर्पण करून श्रद्धांजली ओपली. दक्षीण गोंय जिल्हाधिकारी श्रीमती एग्ना क्लिटस आनी हेर मानेस्त ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

उपरांत राज्यपालान मडगांवच्या जैन मंदिराक भेट दिली आनी आशीर्वाद घेतलो. जैन मंदिराचे अध्यक्ष श्री शांतीलाल मेहता हांणी राज्यपालांक येवकार दिलो.

उपरांत राज्यपालान असोळणा हांगाच्या सर्गेस्त डॉ. ज्युलिओ मिनेझिस हांच्या घराक भेट दिली. आमदार क्रूझ सिल्वा, रवी मिनेझिस आनी हेरांनी तांका येवकार दिलो. राज्यपाला बाणावलेच्या वस्तूसंग्रहालयाक भेट दिली. आमदार कॅप्टन व्हेंझी व्हिएगास आनी व्हिक्टर ह्यूगो गोम्स हांणी तांका येवकार दिलो.

राज्यपालान वार्काच्या चर्चीक भेट दिली. थंय तांका फादर लुईस अल्वारिस हांणी येवकार दिलो. राज्यपाल श्री पी एस श्रीधरन पिल्लई आनी श्रीमती रीता श्रीधरन पिल्लई हांणी मडगांवच्या श्री विठ्ठल रखुमाई मंदिराकय भेट दिवन प्रार्थना केली.

उपरांत राज्यपालान फातोर्डा हांगाच्या श्री दामोदर मंदिर आनी चंद्रवाडो, फातोर्डा हांगाच्या बिलाल मशिदीक भेट दिली आनी प्रार्थना केली. ह्या वेळार आमदार श्री विजय सरदेसाय उपस्थित आशिल्लें.

राज्यपाला वांगडा राज्यपालांचे सचीव श्री संजीव गावस देसाय; राज्यपालांचे विशेश अधिकारी श्री आर. मिहिर वर्धन आयएएस (निवृत्त); इतिहासकार श्री संजीव सरदेसाय, राजभवनातले श्री ए. कल्याण हर्ष आनी हेर अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/555

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.